## स्वातंत्र्यदिस सुवाळयाक हजर रावपाखातीर स्वातंत्र्य सैनिकांक कदंब बशीची वेवस्था

ता. 3 ऑगस्ट 2018
12 श्रावण 1940

स्वातंत्र्य सैनिकांक पणजेच्या पोरणे सचिवालयाकडेन 15 ऑगस्टाक सकाळी 8.45 वरांचेर जावपी भारत स्वातंत्र्यदिस कार्यक्रमाक हजर रावपाक मेळचे म्हुण गृह खात्यान कदंब बशींची वेवस्था केल्या. ता. 15 ऑगस्ट 2018 दिसा म्हापशेच्या हुतात्मा चौकाकडल्या सकाळी 8.00 वरांचेर जीए-03-एक्स-602 ह्या क्रमाकाची बस स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पणजे येतली.

पोरणे सचिवालयाकडलो कार्यक्रम जाल्या उपरांत जीए-03-एक्स-602, (बसचालक श्री. हेमंत केरकर,बॅच नं. 2708, संपर्क नं. 9765727622/2410311) आनी जीए-03 एक्स-0591,(बसचालक श्री. सच्चित एन. परब, बॅच नं. 5326, संपर्क नं. 8412877508/ 2438034) या क्रमाकांच्यो बशीं स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पत्रादेवी वतल्यो आनी पत्रादेवीचो कार्यक्रम जाल्या उपरांत दनपरां 12.30 वरांचेर दोनीय बशीं स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पणजे येतल्यो.